11th July 2026

8.40am

मुखेल खबरो

- भारत आनी न्यूझीलंड हांणी आयज संरक्षण, पशुपालन, आपत्ती वेवस्थापन हांचो आस्पाव आशिल्ल्या पांच मुखेल समन्वय पत्रांचेर स्वाक्षरी केली.
- भारतीय नौदल आयज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापट्टणमात, सवी 17ए देशी 'स्टेल्थ फ्रिगेट' महेंद्रगिरी आपल्या ईस्टर्न फ्लीटात आस्पवित करपाक तयार आसा.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी ऑकलँडांत, न्यूझीलंडांतले आपले समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पावंड्याचेर उलोवणी केली.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी, देशाची दर्या-देगेवेली सुरक्षा अभेध्य करपा खातीर सरकार खरपणान वचनबद्ध आसा, अशे सांगले.
- भारतीय रेल्वेन उत्तर रेल्वेच्या 680 मार्ग किलोमीटरांचेर, कवच तैनाती खातीर 206 कोटी रुपयांची मान्यताय दिल्या.
- फिफा विश्वचषकांत, स्पेनान दुसरे क्वार्टर फायनलींत, बेल्जियमाक 2 आड 1 अशे हरोवन उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयल्या.

भारत आनी न्यूझीलंड ऑकलँड -

भारत आनी न्यूझीलंड हांणी आयज संरक्षण, पशुपालन, दुग्ध, पर्यटन, खेळ, आपत्ती वेवस्थापन हांचो आस्पाव आशिल्ल्या पांच मुखेल समन्वय पत्रांचेर स्वाक्षरी करून, दोनूय राश्ट्रां मदल्या द्विपक्षीय संबंदांत एक नवो अध्याय गाठला. ऑकलँडांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी न्यूझीलंडतले तांचे  समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे मदीं प्रतिनिधी मंडळ पांवड्यार उलोवणी जाले उपरांत, ह्यो कबलाती जाल्यो. भारत-पॅसिफिक वाठारांतली सुरक्षा घटमूट करपाचो हेत आशिल्लो, दर्यावेले सहकार्य वाडोवपाखातीर संरक्षण मंत्रालय आनी न्यूझीलंड संरक्षण दळ, हांचेमदीं वेवस्थेचे निवेदन जालें.

नौदल महेंद्रगिरी -

भारतीय नौदल आयज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापट्टणम हांगा, सवी 17ए देशी 'स्टेल्थ फ्रिगेट' महेंद्रगिरी (एफ38) आपल्या 'ईस्टर्न फ्लीट' आस्पवित करपाक तयार आसा. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग ह्या सुवाळ्याच्या अध्यक्षपदार आसतले. संरक्षण आत्मनिर्भरता आनी देशी झुजारी जहाज बांदपाचे दिकेन, भारताच्या प्रवासांत हो आनीक एक म्हत्वाचो पावडो थारतलो. विशाखापट्टणमांत नौदल कर्मचाऱ्यांक संबोधीत करतना, संरक्षण मंत्र्यानी हिंद म्हासागर प्रदेशांत, शांतताय आनी स्थिरताय हांची हमी दिवपी, भारताच्या भुमिकेक परतून पुष्टी दिली.

प्रधानमंत्री ऑकलँड -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ऑकलँडांत, न्यूझीलंडांतले आपले समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पावंड्याचेर उलोवणी केली. फाटल्या दोन वर्सांत खास करून वेपार आनी वाणिज्य आनी संरक्षण मळार म्हत्वाची प्रगती जाल्ल्या, द्विपक्षीय संबंदाचो दोनूय फुडारी नियाळ घेतले. न्यूझीलंड भेटेक लागून, दोनूय देशां मदल्या संबंदांक नवी गती मेळटली, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी उक्तावण उलोवपांत सांगलें. आतां दोनूय देशांनी रणनिती भागीदारी स्थापन करून म्हत्वाचें पावल उबारलां, जी फुडल्या सहकार्याक मार्गदर्शन करतली, अशें तांणी सांगलें. दोनूय राश्ट्रां मदली लोकशाय मुल्यां आनी दर्यावेल्या संबंदांचेर भर दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी , भारत-पॅसिफिक वाठारांत शांतताय, स्थिरताय आनी सुरक्षा घटमूट करपाक, भारत आनी न्यूझीलंडाची म्हत्वाची भुमिका आसूं येता, अशे सांगले. 40 वर्सांत भारतीय प्रधानमंत्रीची न्यूझीलंडाची हि पयली भेट. उपरांत, प्रधानमंत्री मोदी नामनेच्या वेवसायीक आनी खेळां व्यक्तीं कडेन संवाद सादतले. दोनूय देशां मदीं आशिल्ल्या घटमूट संबंदांचें प्रतिबिंब म्हणून, प्रधानमंत्री मोदी आयज भारतीय लोकांच्या मेळाव्याक संबोधित करतले.

गृहमंत्री अमित शाहा -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी, देशाची दर्या-देगेवेली सुरक्षा अभेध्य करपा खातीर सरकार खरपणान वचनबद्ध आसा, अशे सांगले. केंद्रीय बंदर, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांचे वांगडा, ब्युरो ऑफ पोर्ट सुरक्षा (बी.ओ.पी.एस) स्थापन करपाच्या प्रगतीचो नियाळ घेतना, मंत्री शाह उलयताले.

फकत परवानो आशिल्ल्या खाजगी सुरक्षा एजन्सींक बंदर सुरक्षा सोंपवची, आनी केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळान, प्रशिक्षीत कर्मचाऱ्यांक नेमपाक जाय अशें य घर मंत्र्यांनी सांगलें. सद्याच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो उपेग करून बंदर सुरक्षा प्रशिक्षण संस्थेंत, प्रशिक्षण बेगीन सुरू करचें, अशें य तांणी निर्देश दिलें.

रतीय रेल्वे -

भारतीय रेल्वेन उत्तर रेल्वेच्या 680 मार्ग किलोमीटरांचेर, कवच तैनाती खातीर 206 कोटी रुपयांची मान्यताय दिल्या. हाका लागून सुरक्षीतताय आनी कार्यावळीची कार्यक्षमताय वाडटली. उच्च दाटायेच्या आनी रणनितीन म्हत्वाच्या मार्गांनी, देशी सुरक्षेची वेवस्था वाडोवप हो प्रकल्पाचो हेत आशिल्लो. रेल्वे मंत्रालयान, दिल्ली विभागाच्या रेवारी-दिल्ली आनी शकुरबस्ती-बथिंडा विभागाचेर, कवच वर्जन 4.0 ची तरतूद लागू जातली, अशे सांगले. रेल्वेची टक्कर आडावन, सुरक्षीतताय वाडोवपा खातीर ही पद्दत तयार केल्या.

उपराष्ट्रपती बिहार -

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज बिहारांतल्या गयाच्या दौर्यार आस्तले. ह्या भेटी वेळार, गया हांगाच्या बिहार भौशीक प्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संस्थेंत, बिहार विधानसभेच्या वांगड्यां खातीर प्रशिक्षण कार्यावळीच्या उक्तावण अधिवेशनांत, ते उलोवप करतले.

जयशंकर ओमान -

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल मस्कतांत, आपल्या ओमानी समकक्ष बदर - बिन- हमद- अल- बुसैदीक मेळून, दोनूय देशां मदल्या सहकार्याच्या वेगवेगळ्या मुद्दया विशीं चर्चा केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ. जयशंकर हांणी वेपार, गुंतवणूक, जोडणी, तंत्रगिन्यान, संरक्षण, सायबर आनी एआयचेर उलोवप जाले, अशे सांगले . तशेंच आखातांतल्या घडामोडीं विशीं आनी ह्या वाठारांत शांतताय आनी स्थिरताय सुनिश्चीत करपाचे यत्न हांचे विशीं, दोनूय फुडाऱ्यांनी व्यापक विचार विनिमय केलो. भारत आनी ओमान हांचे मदल्या रणनिती भागीदारीचो विस्वास ह्या चर्चेतल्यान दिसून येता, अशें मंत्री जयशंकर हांणी सांगलें.

अर्जुन राम मेघवाल -

विज्ञान आनी समाज एकठांय विकसीत जाल्ल्यान, तंत्रगिन्यान मनशाच्या जिविताचो एक अभिन्न भाग जाला, अशें कायदो आनी न्याय राज्यमंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या पुस्तक विमोचन कार्यावळींत, मार्गदर्शन करतना मेघवाल हांणी, कृत्रिम बुध्दीमत्तेचें रुपांतर संदित करप आनी भारताचे सांस्कृतीक दायज सांबाळपा खातीर, तिचो वापर करप हें मुखेल आव्हान आसा, अशे सांगले. देशाच्या शाश्वत उदरगती खातीर, एआयची मजत घेवपाक जाय, अशें तांणी सांगलें. ह्या वेळार उलयतना, बायलां आनी बाल विकास राज्यमंत्री सावित्री ठाकुर हांणी, बायलांनी नव्या तंत्रगिन्यानाचो वापर करपाक, मर्यादीत रावचे

न्हय. उदरगतींत सक्रीयपणान वांटो घेवचो, अशे सांगले. समावेशक आनी सशक्त समाज उबारपा खातीर तंत्रीक नवनिर्माणांत, बायलांनी वांटो घेवप गरजेचें आसा. इंडिया एआय मिशन खाला, सरकार एआय संबंदीत मुळावी बांदावळ घटमूट करून, देशभरांत एक घटमूट अशी कृत्रिम बुद्धिमत्ता पर्यावरण प्रणाली विकसीत करता, अशेंय तिणें सांगलें.

ज्योतिरादित्य सिंधिया -

केंद्रीय मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया आनी मेघालयाचे मुख्यमंत्री कॉनराड सांगमा हांणी, राष्ट्रीय राजधानीच्या दिल्ली हाट हांगा, मेघालय अनसाचे  फेस्ट 2026च्या, चवथे आवृत्तीचें उक्तावण केलें. अनस पिकोवप्यांक गिरायक, किरकोळ विक्रेते, अन्न वेवसाय आनी निर्यात बाजारपेठे कडेन जोडपा खातीर, हो वर्सुकी महोत्सव म्हळ्यार, राज्याची मुखेल माची जाल्या. काल ह्या संदर्भात उलयतना मंत्री सिंधिया हाणी, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 'व्हॉकल फॉर लोकल' आनी 'लोकल टू ग्लोबल' ह्या दृश्टीकोनाचेर आदारून, ही कार्यावळ तयार केल्या, अशे सांगला. अशे तरेच्यो कार्यावळी वेपाराक आनी संवसारीक पांवड्यार शेतकारांच्या क्षमतेक नवी चालना दितात, अशें तांणी सांगलें.

व्हेनेझुएला भूंयकांप -

व्हॅनेझुएलांतल्या विध्वंसक भूंयकांपांत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो चार हजारां वयर पावला. व्हॅनेझुएलाचे संसद मुखेली जॉर्ज

रॉड्रिगीसान सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्मीचेर बरयलां की, 24 जून दिसा फाटो फाट 7.2 आनी 7.5 तीव्रतेच्या भूंयकांपाक लागून, दर्यादेगेवेल्या ला गुआरा राज्यांत, उण्यांत उणे 4 हजार 118 लोकांक मरण आयलें जाल्यार 16 हजार 740 जाण जखमी जाले. आनीक हजारांनी लोक बेपत्ता आसात.

फिफा -

फिफा विश्वचषकांत, स्पेनान काल रातीं अमेरिकेंतल्या इंगलवूड हांगाच्या, लॉस एन्जेल्स स्टेडियमांत जाल्ले दुसरे क्वार्टर फायनलींत, बेल्जियमाक 2 आड 1 अशे हरोवन उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयल्या. ताचे आदीं बोस्टनांत जाल्ल्या पयल्या क्वार्टर फायनलींत, मोरोक्कोचेर 2 आड शून्य अशे जैत मेळोवन, फ्रांस सेमी फायनलींत पावलो. उरिल्ल्या क्वार्टर फायनलींत, आयज रातीं मियामी गार्डन्सांत, नॉर्वे आनी इंग्लंडाचो खेळ जातलो. भारतीय वेळे प्रमाण, राती अडेज वरांचेर हि मॅच सुरू जातली. फाल्यां कॅन्सस सिटींत जावपी चवथ्या क्वार्टर फायनलींत, डिफेंडिंग चॅम्पियन आर्जेन्टिना आनी स्वित्झर्लंड आड खेळ जातलो.

विंबलडन टेनिस -

विंबलडन टेनिसांत आयज लंडनांत जावपी बायलांच्या एकोड्या सर्तीच्या फायनलींत चेकियाची कॅरोलीना मुचोवा ही लिंडा नोस्कोवा हांचे कडेन झुजतली. दोनूय खेळगडी आपल्या पयल्या विंबल्डन खिताबाचो फाटलाव करतात. मजगती, फाल्यां दादल्यांच्या एकोड्या

सर्तीच्या फायनलींत, संवसारीक क्रमांक एकचो खेळगडो जॅनिक सिनर आनी जर्मनीचो अलेक्झांडर झ्वेरेवा आड खेळ जातलो.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांखातीर बिहार, उत्तर प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन ऑरेंज अलर्ट जारी केला. फुडल्या पांच दिसांत हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, अरुणाचल प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, लद्दाख, आनी जम्मू-काश्मीर वाठारांत लेगीत व्हडा प्रमाणात पावस आसतलो. तशेच अंदमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश, मध्य प्रदेश, तेलंगणा, कर्नाटक, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, अस्तंत मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, झारखंड, आनी ईशान्य वाठारांतल्या कांय भागानी फुडल्या तीन चार दिसांत, वीज आनी वादळी वारें संयत पावसाची शक्यताय आसा. दिल्लींत आयएमडीन दिसाचे गडगड मारून, काय प्रमाणात पावस पडू येता, असो अदमास उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- भारत आनी न्यूझीलंड हांणी आयज संरक्षण, पशुपालन, आपत्ती वेवस्थापन हांचो आस्पाव आशिल्ल्या पांच मुखेल समन्वय पत्रांचेर स्वाक्षरी केली.

- भारतीय नौदल आयज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापट्टणमात, सवी 17ए देशी 'स्टेल्थ फ्रिगेट' महेंद्रगिरी आपल्या ईस्टर्न फ्लीटात आस्पवित करपाक तयार आसा.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी ऑकलँडांत, न्यूझीलंडांतले आपले समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पावंड्याचेर उलोवणी केली.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी, देशाची दर्या-देगेवेली सुरक्षा अभेध्य करपा खातीर सरकार खरपणान वचनबद्ध आसा, अशे सांगले.
- भारतीय रेल्वेन उत्तर रेल्वेच्या 680 मार्ग किलोमीटरांचेर, कवच तैनाती खातीर 206 कोटी रुपयांची मान्यताय दिल्या.
- फिफा विश्वचषकांत, स्पेनान दुसरे क्वार्टर फायनलींत, बेल्जियमाक 2 आड 1 अशे हरोवन उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयल्या.

--------------